NKANI
GLISH

विश्व कोंकणी बाल साहित्य माळा

TALES FROM HITOPADESHA

The Proud Crow

गर्विष्ठ कावळो

The Proud Crow

गर्विष्ट कावळो

Media Fusion (India) Pvt. Ltd.
© All Rights Reserved.
www.appuseries.com

No part of this publication may be reproduced, stored in or introduced into a retrieval system, or transmitted in any form or by any means (electronic, mechanical, photocopying, recording, or otherwise), without the prior written permission.

Illustrated by: Narsi. Translated in Konkani: Jaishri Shaanbhag
This Publication is sponsored by: Shri Ramadas Kamath U., Bangalore.

Once upon a time there was a very proud crow.

One day, as he was sitting on the bank of a very wide river, he saw a flock of geese fly to the bank.

He said, "Ha! Look at those geese, they can't fly half as gracefully as I!"

खूब फाटले दिसाची एक गजाल. एक आसलो कावळो, खूब गर्विष्ट, घमंडी.

एक दीस तो न्हंयचे देगेर बशिल्लो. थंय तांणे हंस पक्ष्यांलो एक झुंड उडत येवचो पळयलो.

"हेह्, ह्या हंसांक पळय, हांवे उडिले भशेन सुंदर करून तांका उडचा कळना." म्हण तांणे म्हळें.

The geese landed near him. One goose looked at him and politely said, "Hello Mr. Crow, how do you do?"

He turned to the goose and said in a vain voice, "Hello! I see that you all are a bunch of clumsy fliers! Would you like me to teach you to fly?"

इत्ल्यांत हंस पक्षियो सकयल देवनु कावळ्याले म्हर्यांत आयल्यो. एक पक्षीन नमळायेन "नमस्कार कावळे माम्मा, बरोमुं? म्हण वासपूस घेतली.

कावळो हंस पक्षी वाटेन फिरून मिजाशी पणान "हां! हां! नमस्कार. तुमी कशेंबशें उडचें पळयलें हांवे. तुमकां सुंदर करून उडचें शिकोवुं कि कितें?" म्हणपा लागलो.

The goose was very offended by the crows remark and said, "No thank you! Our wings serve us well and we don't need to be taught to fly!"

कावळ्यालीं उतरां आयकून हंस पक्ष्यांक वायट दिसलें. "नाका! धन्यवाद आमचीं पाखां आयज मेरेन घट्टमुट्ट आसात. उडचो पाठ आमकां शिकोवपाचो नाक्का. देव बरें करूं" म्हळें एक हंसान.

The crow laughed and said, "Well you can fly! But it's quite a clumsy way to fly. You can't do somersaults or glide in the breeze! Here let me show you how well I fly!"

कावळ्यान हासत हासत "न्हंय, तुमी उडतले तें खरें! जाल्यार वांकडे तिंकडे उडतात तुमी. तुमकां पलटी मारपाक, वार्यांतु 'झर्र' करून निसरचाक शक्यना.. म्हाका पळया! हांव कित्ले सुंदर करून उडतां म्हळ्ळें दाखयतां." म्हळें.

The crow then flapped his wings and flew, doing somersaults and gliding in the air.

He then said, "See how well I fly! I challenge you to a flying competition."

अशें म्हणत म्हणत तो कावळो आपलीं पाखां फुलोवन, पलटी मारून, वार्यांत 'झंय' करून चडलो.

"हे! पळयलें? हांव कित्ले सुंदर करून उडतां! उडचे सर्तेंत वांटो घेवचाक हांव तुका आपयतां! यो! यो.." म्हणचा लागलो.

The goose said, "Fine! I accept your challenge."

He then rose into the air and began flying. The crow followed making nasty remarks about the goose.

हंस पक्षीन म्हळें – "बरें! तुगेलें आपोवणे म्हाका कबूल आसा."

हंस पक्षी वयर उडलो. कावळो ताक्का चाळयत ताचे फाटल्यान उडलो.

The goose ignored the crow and flew on.

He flew and he flew and soon they were so far over the river that they could not see even a speck of land below.

कावळ्याले उतरांक हंसान कान दिलेच नात. तो उडत चललो.

दोगीं उडत उडत न्हंयचेर खूब पयस मेरेन उडले. सकयल पळयल्यार फक्त उदकाची रास. खंयिच जमीन दिसना.



The crow began to get tired and started flying lower and lower. The goose on the other hand kept flying.

He turned to the crow and said, "Wow! Mr. Crow is that another trick of yours to fly so close to the water?"

कावळो थकलो. थकचादेखून ताक्का वयर उडचाक शक्यना जालें. पुण हंस पक्षी उडत रावली.

हंस पक्षीन कावळ्याक उद्देशून "ओहो! कावळे माम्मा हें कितें? उदका लागीं उडचो तुजो नवो उपायकि?" म्हण विचारलें.

The crow was losing his strength fast and said, "No brother, I can fly no more. I'm going to drown if I don't have some rest. Please help me!"

ह्या वाटेन कावळो पूराय निश्शक्त जायत चलिलो. "ना बाबा ना.. म्हजान आनी उडचाक जायना! हांव थकलांङ्ग. आतां थोडी विश्रांती घेना जाल्यार हांव उदकांत बुडूनु मरतलों ङ्ग मदत करङ्ग मदत कर." अशें तांणे हंसा कडेन मागलें.

The goose felt sorry for the crow and so, he carried the crow on his back to the bank of the river.

The crow lay gratefully and said, "Thank you for saving my life brother goose! I'm very sorry for being so rude and proud. I hope you will forgive me."

हंस पक्षीक कावळ्याची काकुळत दिसली. ताक्का आपले फाटीर बसोवन घेवन न्हंयचे देगेर हाडून सोडलें.

"म्हजो जीव वाटयलो तूंवे. तुका देव बरें करूं. म्हजी चूक जाली. हांव तुमचे लागींन निबर जावन वागिले खतीर म्हाका माफ करा." म्हळें कावळ्यान.

The goose said, "I hope you realize that though I may not be able to do tricks, my wings serve me in a very different way. I will forgive you if you promise never to be overcome by your pride."

हंस पक्षीन म्हळें –"म्हाका फटवणूक करचाक कळना. तशेंच कांयतरी युक्ती करून नांव कमोवचाकय कळना. म्हजी पाखां म्हाका वेगळे थरेन मदत करतात. हांवे सांगिलें तें तुजे लक्ष्यांत आयलें म्हण समजतां हांव. हाचे उपरांत तूं गर्विष्टपणान, घमेंडीन वागणूक करना म्हण म्हाका उतर दिल्ल्यार हांव माफ करीन."

The crow promised to remain humble and said, "Thank you for teaching me that we all have our own limitations. I will always remember this!"

The goose forgave him and they became good friends.

आपण हाचे मुकार नमळायेन वागतां अशें कावळ्यान उतर दिलें. "आमची उणीव, त्रुटी हांचे बदल सांगिल्याक खूब आभारी जावन आसात. हांव केन्नाय हें याद दवरतांलों." म्हळें कावळ्यान.

हंस पक्षीन ताक्का माफ केलो. दोगीं बरे दोस्त जावन रावले.

Konkani Language and Cultural Foundation
World Konkani Centre, Konkani Gaon, Shakti Nagar, Mangalore -575016
Phone: 0824-2231877 email: baraya@vishwakonkani.org,
website: www.vishwakonkani.org

KONKA
ENGLIS

The Proud Crow

गर्विष्ट कावळो

TALES FROM HITOPADESHA

Humility and the need to know our limitations are some of the most important values in life. The proud crow learnt them the difficult way...What about you?

The Appu Series consists of beautifully illustrated and captivatingly narrated books which bring to life tales from the Hitopadesha. These ancient Sanskrit stories will help instruct young minds and present the philosophies of life in a simple and logical manner.

Enjoy more books in our Appu Series

Panchatantra Tales
Hitopadesha Tales
Akbar and Birbal Stories
Traditional Tales
Indian Folk Tales
Moral Stories
Spiritual Tales
Jataka Tales
Early Learning Flap Books
Tales from Arabian Nights
Tales from AESOPS
Tenali Raman Tales
Activity Books
Picture Books
Nursery Rhymes
A Mahatma Called Gandhi

APPU SERIES

Media Fusion (India) Pvt. Ltd.
● All Rights Reserved
50/A3-2, Palace Road, Bangalore - 52, Tel: (080) 4112 5594, Fax: (080) 2225 4850
Email: info@appuseries.com, Web site: www.appuseries.com

₹. 35/-